**<u>मुख्य सचिवान वेंचणूक तयारीचो नियाळ घेतलो</u>**

ता. 4 फेब्रुवारी 2022

मुख्य सचीव श्री. पुनीत कुमार गोयल हांणी बसकेत गोंय विधानसभा वेंचणूकीच्या तयारीचो नियाळ घेतलो. मुख्य सचिवान मतदान केंद्रांचेर आवश्यक सुविधां उपलब्ध करपाच्या वेवस्थेची माहिती करून घेतली.

बसकेक मुखेल वेंचणूक अधिकारी श्री. कुणाल, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी आनी निर्वाचन अधिकारी श्री. अजीत रॉय, दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी आनी निर्वाचन अधिकारी श्रीमती रूचीका कात्याल, भौशीक बांदकाम खात्याचे प्रधान मुख्य अभियंते श्री. उत्तम पार्सेकार, जीएसआयडीसी चे एमडी श्री. हरिष अडकोणकर आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्ले.

उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी आनी निर्वाचन अधिकारी श्री. अजीत रॉय आनी दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी आनी निर्वाचन अधिकारी श्रीमती रूचीका कात्याल हांणी वेंचणूक आयोगाच्या मार्गदर्शना प्रमाण दोनीय जिल्हयानी केल्ल्या वेंचणूक वेवस्थेची बसकेत म्हायती दिली.

श्री. उत्तम पार्सेकार हांणी भौशीक बांदकाम खात्यावतीन मतदान केंद्रांचेर केल्ल्या सुदारणेच्या कामांची आनी वेवस्थेची म्हायती दिली.

मतदान केंद्रांचेर मतदान अधिकारी आनी मतदारांच्या सोयिखातीर पोर्टेबल टॉयलेट, उदकाची वेवस्था, कोवीड सुरक्षा उपाय अशां साबार वेवस्थेचो बसकेत नियाळ घेतलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/98

--
Issued by
Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji